आकाशवाणी, पणजी
राष्ट्रीय खबरांपत्र
२५ एप्रील, सांजे ६.३०

-------------------

केंद्रीय मंत्रीमंडळान २०८-१९ वर्सा खातीर कच्च्या तागाचें उणे आदारी मोल वाडोवपाक मंजुरी दिल्या. सादारण सरासरी कच्चा तागाचें सरकारी खरेदी मोल तीन हजार ७०० रुपया प्रती क्विंटल अशें थारायलां. केंद्रीय मंत्रीमंडळान राष्ट्रीय दिर्घ अवधी शेती मिशना खाला केंद्र पुरस्कृत राष्ट्रीय बांबू मिशनाक चवदाव्या वित्त आयोगाच्या उरिल्ल्या कार्यकाळा खातीर जारी दवरपाक मंजुरी दिल्या. ह्या उद्देशा खातीर १ हजार दोनशे ९० कोटी रुपयांची तजवीज केल्या. बांबू मळार उदरगत घडोवन हाडपाक आनी उत्पादक तशेंच उद्देग हांचे मदलें नातें घटमूट करपाचेर मिशनान भर दिला.

----------------------

भारत आनी मंगोलीया द्विपक्षीय वेपार आनी गुंतवणूक वाडोवपाक सहमत जाल्यात. विदेश मंत्री सुशमा स्वराज सद्या मंगोलीयांत आसात. तांणी मंगोलीयाचे विदेश मंत्री टी सोगताबातार हांचे कडेन उलानबातार शारांत उलोवणी केली. दोनूय देशांनी सादन सुविधा उदरगत, उरजा, सेवा आनी आयटी ह्या मळांचेर अर्थीक सहकार्य वाडोवपाचें थारायलां. मंगोलीया हो उदेंत भारत वाठारांत थीरतायेचो एक मुखेल भागीदार जावंक शकता अशें स्वराज हांणी सांगलें.

------------------------

राजस्थानांतल्या जोधपूर न्यायालयान आप घोशीत गुरू आसाराम हाका पांच वर्सा आदल्या बलात्कार प्रकरणांत दोशी थारावन

जल्मठेपची ख्यास्त फर्मायल्या. खासा न्यायाधीश मधुसुदन शर्मा हांचो निवाडो जोधपूर सेंट्रल बंदखणींत वाचून दाखयलो. ७७ वर्सां पिरायेचो आसाराम हे बंदखणींत आसा. एस-एसटी केशी विशींच्या खासा न्यायालयान हेर दोन आरोपीक शिरपी आनी शरद हांकां थोशी थारायल्यात. प्रकाश आनी शिवा हांकां निर्दोश थारायल्यात. आसारामाक जल्मठेप जाल्यार हेर दोन दोशींक २० वर्सां बंदखण फर्मायल्या.

------------------------

देशाची पर्यावरणीय सुरक्षा राखपा वटेन राना अधिकाऱ्यांनी वावुरचें अशें आवाहन उपरराष्ट्रीय एम वेंकय्या नायडू हांणी केलां. ते आयज डेहराडुनंत इंदिरा गांधी नॅशनल फोरेस्ट अकादमींत भारतीय रान सेवेच्या प्रोबेशनरांच्या वर्सुकी परिशदेंत उलयताले. अन्न आनी पर्यावरणीय सुरक्षा देशा खातीर भोव म्हत्वाची अशें उपरराष्ट्रपती नायडू हांणी सांगलें. समाजांतल्या गरिबांतल्या गरिबां खातीर रान अधिकाऱ्यांनी वावुरचें असो उलो तांणी मारिल्लो.

-------------------------

कर्नाटक विधानसभा वेंचणुके खातीरचे अर्ज आयल्यात. तांची छाननी आयज सुरू आसा. २२४ मतदारसंघा खातीर ३००० परस चड उमेदवारी अर्ज आयल्यात. फुडल्या म्हयन्याच्या १२ तारखेक वेंचणूक जातली. शुक्रार मेरेन अर्ज फाटीं घेवपाची मेकळीक आसा. राज्यांतल्या वेगळ्यावेगळ्या राजकी पक्षांचे फुडारी वेंचणूक प्रचाराकसुरवात करतले. भाजपाचे राष्ट्रीर अध्यक्ष अमित शाह आनी एआयसीसी राष्ट्रीय अध्यक्ष राहुल गांधी ह्या सप्तकांत कनाटकांत वेंचणूक प्रचार करतले.

---------------------

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत आयज रॉय चॅलेंजर्स बंगळुरू आनी चेन्नय सुपर किंग्स ह्या पंगडां मर्दीं खेळ जातलो. रातीं आठ वरांचेर बंगळुरूंत एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमार हो खेळ जातलो. बंगळुरूचो पंगड वळेरेंत आठव्या गुणा सयत सव्या क्रमांकाचेर आसा. जाल्यार चेन्नय वळेरेंत दुसऱ्या क्रमांकाचेर आसा.

--------------------

भारत आनी चीन मजगतीं भौउद्देशी संबंद आसा आनी तांचो क्षेत्रीय आनी संवसारीक पांवड्यार व्हड प्रभाव पडटलो अशें संरक्षण मंत्री निर्मला सितारामनान सांगलें. चीनाचे संरक्षण मंत्री जनरल वेई फंग बरोबर काल पेंइचिंगांत जाल्ले बसकेंत त्यो उलयताल्यो. भारत दोनूय देशा मजगतच्या संबंदांक आपल्या विदेशी नितीन म्हत्वाची सुवात दिता अशेंय मंत्री सीतारामन हांणी सांगलें.

-----------------------

जम्मू काश्मीरांतल्या सोनमार्ग-द्रास वाठारांतल्या ४३४ किलोमिटर श्रीनगर-लेह राष्ट्रीय महामार्गा वयली फाटली पांच दीस बंद आशिल्ली येरादारी परतून आयज सुरू जाल्या श्रीनगर आनी लडाख वाठारांक जोडपी हो मार्ग आसा.

------------------------

अटल नवकल्पना अभियाना खाला निती आयोग फाल्यां २६ तारखेर अटल न्यू इंडिया चॅलेंजचो आरंभ करतले. अटल न्यू इंडिया चॅलेंज पांच मंत्रालयाच्या सहकार्यान राबयतले. हवामान बदला कडेन सुसंगत शेती, कोयर वेवस्थापन सारकिल्ल्या १७ मळांनी आधुनीक तंत्रगिन्यानाचो वापर करीत विक्री खातीर उत्पादनां तयार करपा खातीर संभाव्य नवकल्पनाकार, सुक्ष्म लघू आनी मध्यम उद्वेग मळ स्टार्ट अप्सा कडल्यान अटल नवकल्पना अभियाना खाला अर्ज मागयतले. निर्मिती, तंत्रगिन्यान हे विशीं तांक दाखोवपी अर्जदाराक

एक कोटी रुपयां मेरेनचे अनुदान मंजूर करतले. ते खेरीज, ह्या अनुदानाक उत्पादनाच्या साबार पांवड्याचेरय फावो ती मजत करतले. २६ तारखेक जावपी कार्यावळींत केंद्रीय म्हामार्ग येरादारी मंत्री नितीन गडकरी, केंद्रीय कृशी मंत्री राधामोहन सिंग हाजीर रावतले.